**Panaji national news**

**17.05.2025,,,6.30 pm**

**धनखर**

संकश्टाच्या वेळार आपल्या हिताक दुस्मानपण आशिल्ल्या आनी ताचे आड टिकपी देशांक सशक्त करप भारताक आतां परवडना अशें उपराष्ट्रपती जगदीप धनखरान आयज सांगलें. आयज नवी दिल्लींत जयपुरिया इन्स्टिट्यूट ऑफ मॅनेजमेंटाच्या वर्सुकी दीक्षांत समारोहांत संबोधन करतना, दरेक व्यक्तीक सुरक्षा मळार राष्ट्राक मजत करपाक सशक्त आसा अशें श्री धनखरान उक्तायलें. वेपार, वेवसाय, वाणिज्य आनी खास करून उद्देगधंद्यांची सुरक्षा प्रस्नांत म्हत्वाची भुमिका आसूं येता अशें तांणी स्पश्ट केलें. तशेंच श्री धनकार हांणी सगल्या सशस्त्र दळांक आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीक चालू आशिल्ल्या ऑपरेशन सिंदूर खातीर उल्लेखनीय यश मेळिल्ल्यान नमस्कार केलो..भारताच्या आतंकवाद विरोधी यत्नांत नवो मानक थारायला अशें सांगून झुजाची यंत्रणा आनी आतंकवादाच्या आड झुजांत नवो मापदंड थारायला अशें श्री धनखरान सांगलें.

**मनोहर लाल**

ह्या म्हयन्याच्या 19 तारखेक जावपी ब्रिक्स उर्जा मंत्र्यांचे बसकेंत वांटो घेवपा खातीर वीज मंत्री मनोहर लाल ब्राझीलाक अधिकृत भेटीचेर

आसात. हे बसकेंत मंत्री ब्रिक्स राश्ट्रांच्या उर्जा मंत्र्यां कडेन उर्जा सुरक्षा, सुलभताय, परवडपा सारकी, आनी टिकावूपण अशा म्हत्वाच्या प्रस्नांचेर चर्चा करतलो.वीज मंत्रालयान एका निवेदनांत सांगलां की, हे बसके वेळार भारतान फाटल्या दशकांतलीं कामगिरी दाखयतले, तातूंत वीज क्षमतेंतूय 90 टक्क्यांनी वाड, नवीकरणीय उर्जा, पाचवी हायड्रोजन, आनी जैव इंधनांत फुडारपण, तशेंच उर्जा क्षेत्रांत नवनिर्माण आनी टिकावू उदरगत हांचो आस्पाव आसा. तशेंच उर्जेची समानताय मेळोवपाची आनी उर्जा संक्रमणाक गती दिवपाची वचनबद्धताय देश परतून पुष्टी करतलो अशें तातूंत म्हणलां.अंदू ब्रिक्स उर्जा मंत्र्यांचे बसकेचो विशय म्हळ्यार समावेशक आनी टिकावू जागतीक शासनाक जागतीक दक्षिण सहकाराक सशक्त करप.

**बहुपक्षीय प्रतिनिधी मंडळ**

ऑपरेशन सिंदूर उपरांत पाकिस्तान प्रायोजीत आतंकवादाचेर भारताची भुमिका मांडपा खातीर सरकार वेगवेगळ्या देशांनी सात बहुपक्षीय प्रतिनिधी मंडळ धाडटा. ह्या म्हयन्याच्या निमाणें संयुक्त राष्ट्र सुरक्षा मंडळाच्या वांगडी देशां सयत मुखेल भागीदार देशांक भेट दिवपाचे आसात. तातूंत वेगवेगळ्या राजकी पक्षांतले खासदार, नामनेचे राजकी व्यक्ती, आनी नामनेचे राजनयिक आसतले.

मजगतीं, प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना भाजपा खासदार रविशंकर प्रसाद हांणी सांगलें, हो उपक्रम प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या पयसुल्ल्या विचारांचें प्रतिबिंबीत करता. भारताच्या सामुहीक संकल्पाक लागून

आतंकवादाच्या आड एकवटीत उबे रावपाचें म्हत्व संवसाराक दिसतलें अशें तांणी सांगलें.

**शंखनाद महोत्सव’**

सनातन संस्थेचे संस्थापक डॉ सच्चिदानंद परब्रह्म. जयंत बालाजी आठवले हांची ८३वी जयंती आनी संस्थेची रुप्या महोत्सव वर्स मनोवपा खातीर गोंयांत १७ ते १९ मे २०२५ मेरेन गोंय अभियांत्रिकी महाविद्यालय, फार्मागुडी, फोंडाच्या मैदानाचेर इतिहासीक ‘सनातन राष्ट्र शंखनाद महोत्सव’ आयोजीत केला. गोंय ही भोगांची भूंय न्हय, ती देवांची भूंय. सनातन संस्कृताय आनी शंखनाद महोत्सवाक लागून हांगाचे अर्थवेवस्थेक आनी संस्कृतीक पर्यटनाक चालना मेळटली. फाटलीं 25 वर्सां सनातन संस्था हिंदू धर्म पातळावपाचें व्हडलें काम करता आनी संतान तयार केल्लीं आध्यात्मिक पुस्तकां तरणाट्यांक प्रेरणा दिवपी आनी फुडल्या शंबर वर्सां खातीर तांकां मार्गदर्शन करपी आसात. सनातन संस्थेचें काम समाजा खातीर प्रेरणादायक आसा अशें गोंयचे मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हानी सांगले.

**एफ ए ओ**

संयुक्त राष्ट्रांच्या अन्न आनी शेतकी संघटनेन (एफएओ) 2024 वर्सा संवसारीक उपासमारी संकश्ट वाडत आशिल्ल्याचें सांगलां, 53 देशांनी 29.5 कोटी लोकांक खर अन्न असुरक्षीततायेचो त्रास जाला, जो 2023 वर्साच्या तुळेंत 1.37 दशलक्ष वाडला. जायत्या वाठारांनी संघर्श मुखेल

चालक उरले, सुदानांत दुकळ आनी गाझा, दक्षिण सुदान, हैती आनी माली हांगा उपासमारीची विनाशकारी पातळी दिसून आयली. तशेंच मे ते सप्टेंबर 2025 ह्या काळांत गाझा हांगा दुकळ येवपाची शिटकावणी ह्या अहवालांत दिल्या.सक्तीन स्थलांतर, अर्थीक धक्को आनी अत्यंत हवामान हाका लागून संकश्ट आनीक वाडलें. एफ ए ओचे महासंचालक क्यू डोंग्यू हांणी खर अन्न असुरक्षा दीर्घकाळाची वास्तवताय जावपाक लागल्या, खास करून गांवगिऱ्या वाठारांनी भर दिलो.

**युट्युबराक अ□क**

पाकिस्ताना खातीर गुप्तचर केल्ल्याच्या आरोपांत हिसारच्या ज्योती राणी ह्या युट्युबराक हरियाणा पुलिसांनी अटक केल्या. हिसारच्या सिव्हिल लायन्स पुलीस स्टेशनांत ज्योती आड गुन्यांव नोंद जाला. तिका न्यायालयांत हाजीर करून पांच दिसांची रिमांड घेतल्या